# भलायकी, नितळसाण आनी पुश्टीकतेचेर कार्यशाळा जाली

ता. 3 मार्च 2017

स्वच्छता पंद्रसीचो एक भाग म्हुण केंद्रीय बायलो आनी भुरगीं उद्दरगत मंत्रालयाच्या सामाजिक अन्न आनी पुश्टीकता विभागान (गोंय) आयज कांपाल हांगा भलायकी सेवा, संचालनालयाच्या परिशद सभाघरात स्वताची भलायकी आनी पर्यावरणीय नितळसाण आनी पुश्टीकता विशयाचेर एका दिसाच्या कार्यशाळेचे आयोजन केल्ले. 1 ते 15 मार्च मेरेन स्वच्छता पंद्रस मनयतले.

भलायकी सेवा संचालक डॉ. संजीव दळवी, उपसंचालक डॉ. जुजे डिसा, बायला आनी भुरगी उद्दरगत मंत्रालयाच्यो प्रात्यक्षिक अधिकारी श्रीमती संगीता राणे आनी हेर अधिकारी ह्या वेळार हजर आशिल्ले.

डॉ. संजीत दळवी हांणी निरोगी भलायकेखातीर प्रत्येकान आपल्या जीणेत नितळसाण राखपाची आनी पुश्टीक अन्न घेवपाची गरज आशिल्ल्याचे सांगले.

डॉ. जुजे डिसा हांणीय आपल्या उलोवपात नितळसाणेचे म्हत्व पटोवन दिले.

वैजकीय अधिकारी श्रीमती सुनिता पेरणी आनी गोंय घरविज्ञान महाविद्यालयाच्यो प्रो. श्रीमती वर्षा नायक हांणी भलायकी, नितळसाण आनी पोशण विशयाचेर व्याख्यान दिले.

सुरवेक श्रीमती संगीता राणे हांणी उपस्थितांक येवकार दिलो जाल्या श्रीमती निता राणे हांणी कार्यावळीचे सुत्रसंचालन केले आनी निमणे उपकार मानले.